Panaji Regional 12th June 2025 7.25am

गोंय विधानसभेचे पावसाळी अधिवेशन 22 जुलैय सावन सुरु जातले अशी म्हायती मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी दिल्या. काल जालल्या मंत्रिमंडळाच्या बसकेत गोंयचे दायज, सुवाती, थळा राखपाच्या धोरणाक मंजुरी मेळ्ळया.ह्या धोरणावरवी गोंयंतल्यो सुमार 200 दायज, इतिहासिक आनी पुरातत्व महत्व आशिल्लया सुवांतीक आनी थळांक सुरक्षितताय आनी खासा आरक्षित सुवात म्हण दर्जो मेळटलो अशी म्हायती मुखेलमंत्र्यानि दिला.

त्या भायर म्हैसाळ पंचवाडी वाठारात उदक शुध्दीकरणाच्या 10 एमएलडी उदका प्रकल्पाक मान्यचाय दिवपाचो निर्णयुय मंत्रिमंडळाच्या बसकेत जाला. रान हक्काचे दावे निकालात काडपाखातीर नवो सर्वेयर नेमपाचो निर्णय सरकारान घेतला अशी म्हायती मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हाणी मंत्रिमंडळाच्या बसके उपरांत घेतिल्लया पत्रकार परीशदेत दिल्या. हे शिवाय कंत्राटी पध्दतीचेंर गोंय वैजकीय म्हाविद्‌यालयात कंत्राटी पध्दतीचेर दोतोरांची भरती, रान खात्यान वतीन बोंडला अभयारण्यात एक पशुवैद्‌यकीय दोतोर नेमप, चिंबल वाठारात प्रस्तावित युनिटी मॉलाच्या कामाची वर्क ओर्डर दिवपाक आयज मंत्रिमंडळात मंजुरी दिल्या तशेच मांद्रे मतदारसंघात 2 हजार चौखण मिटर जागा मसुंडभुय बांधपाक सुवात दिवपाचोय निर्णय ह्या बसकेत जाला.

गोंय विधानसभेचे पावसाळी अधिवेशन 22 जुलैय सावन सुरु जातले अशी म्हायती मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी दिल्या. काल जालल्या मंत्रिमंडळाच्या बसकेत गोंयचे दायज, सुवाती, थळा राखपाच्या धोरणाक मंजुरी मेळ्ळया.ह्या धोरणावरवी गोंयंतल्यो सुमार 200 दायज, इतिहासिक आनी पुरातत्व महत्व आशिल्लया सुवांतीक आनी थळांक सुरक्षितताय आनी खासा आरक्षित सुवात म्हण दर्जो मेळटलो अशी म्हायती मुखेलमंत्र्यानि दिला.

त्या भायर म्हैसाळ पंचवाडी वाठारात उदक शुध्दीकरणाच्या 10 एमएलडी उदका प्रकल्पाक मान्यचाय दिवपाचो निर्णयुय मंत्रिमंडळाच्या बसकेत जाला. रान हक्काचे दावे निकालात काडपाखातीर नवो सर्वेयर नेमपाचो निर्णय सरकारान घेतला अशी म्हायती मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हाणी मंत्रिमंडळाच्या बसके उपरांत घेतिल्लया पत्रकार परीशदेत दिल्या. हे शिवाय कंत्राटी पध्दतीचेंर गोंय वैजकीय म्हाविद्यालयात कंत्राटी पध्दतीचेर दोतोरांची भरती, रान खात्यान वतीन बोंडला अभयारण्यात एक पशुवैद्यकीय दोतोर नेमप, चिंबल वाठारात प्रस्तावित युनिटी मॉलाच्या कामाची वर्क ओर्डर दिवपाक
आयज मंत्रिमंडळात मंजुरी दिल्या तशेच मांद्रे मतदारसंघात 2 हजार चौखण मिटर जागा मसुंडभुय बांधपाक सुवात दिवपाचोय निर्णय ह्या बसकेत जाला.

देशांतल्या आदिवासी समाजाचो सर्वांगिण विकास करपाच्या उद्देशान भारत सरकारान धरती आभा जनजातीय ग्राम उत्कर्ष अभियान येवजण सुरू केल्या. केंद्र सरकाराच्या 17 मंत्रालयांच्या सहकार्यान आदिवासी समाजाच्या सर्वांगिण विकासा खातीर हे येवजणे खाला 25 उपक्रम राबयतात. हे अभियान देशांतली 25 राज्यां आनी 4 केंद्रशशित प्रदेशानी चालू आसा. धरती आभा जनजातीय ग्राम उत्कर्ष अभियान हे आदिवासी समाजाचो विकास आनी सशक्तिकरणा खातीर भारत सरकारान सुरू केल्लो उपक्रम आसा. आदिवासी समाजा मदल्या उणीवांची तफावत पयस करून समाजाच्या सामाजीक-आर्थिक विकासाक चालना दिवपाक शाश्वत आनी समावेशक फुडाराची बुन्याद घालप आनी विकसीत भारत 2047 चे व्हिजन पुर्ण करपाक हातभार लावप हो अभियानाचो उद्देश आसा.आदिवासी वाठारांतल्यो मुळाव्यो सुविधा, भलायकी, शिक्षण आनी उपजिवीका ह्या क्षेत्रातलो उणाव भरून काडपा खातीर धरती आभा जानजातीय ग्राम उत्कर्ष अभियान सर्वसमावेशक उदरगत चालीक लायता

धरती आभा जनजातीय ग्राम उत्कर्ष अभियानाविशीं आदिवासी समाजामदी जागृताय करपा खातीर उत्तर गोंय जिल्हाधिकारी कार्यालया वतीन 15 ते 30 जून 2025 मेरेन जागृताय कार्यावळीचें आयोजन करतले.

केंद्र सरकारच्या अकरा वरसा पुराय जावपाच्या फाटभुयेर आदले खासदार नरेंद्र सावयकार हाणी आपले विचार व्यक्त केले

रेल

फुडल्या म्हयन्याच्या 1 तारके सावन IRCTC च्या संकेतथळा वरवीं आनी अ‍ॅप वरवीं आधारा कडेन आपले खातें प्रमाणीत केल्ल्या वापरप्यांकच तात्काळ तिकीट ऑनलायन बुक करपाक मेळटली अशें रेल्वे मंत्रालयान सांगलां. तात्काळ तिकीटांची निष्पक्ष आनी पारदर्शक उपलब्धताय सुनिश्चीत करपा खातीर आनी प्रवाशांचें हितसंबंद राखपा खातीर हें पावल उबारलां. नव्या येवजणे प्रमाण अंदूं 15 जुलय सावन ऑनलायन तात्काळ बुकींग खातीर आधार आदारीत ओटीपी प्रमाणीकरण सक्तीचें थारतलें.

Weather

ह्या आठवड्यात नैऋत्य मोन्सून परत सक्रिय जावपाची शक्यता आसा, दक्षिण द्विकल्पीय भारत, कोकण आनी गोयांत घोग्यांनी पावस पडतलो.